गोंय विद्यापीठात मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं **28.55** कोटी रुपयांच्या शिक्षणीक सुविधांचे उक्तावण

ता. 17 नोव्हेंबर 2026

गोंय राज्यांतले उच्च शिक्षण, संशोधन आनी तांत्रिक उपक्रम साधन सुविधांनी वाड करपाच्या दिकेन एक म्हत्वाचे पावल म्हूण मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय विद्यापीठातल्या म्हत्वाच्या शिक्षणीक आनी संशोधन पायाभूत सुविधांचे उक्तावण केले. तशेंच भाषास्नॅप वेब ॲप्लिकेशन सुरू केले आनी भारत-पोर्तुगाल ट्विनलॅब भागीदारी सुरू करपा खातीर पोर्तुगालच्या पोर्टो विद्यापीठाच्या बायोपोलिस-सिबिओ (BIOPOLIS-CIBIO) वांगडा समजीकाय कबलातीचे दिवप-घेवप केले. ह्या कार्यक्रमात विद्यापीठाच्या ई-मासिकाचेय प्रकाशन जाले.

विद्यापीठाच्यो शिक्षणीक आनी संशोधन पायाभूत सुविधा मजबूत करपाच्या उद्देशान मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय बिझनेस स्कूलातल्या नवीन संगणक विज्ञान आनी तंत्रज्ञान इमारतीचे, तशेंच ब्लॉक 'ई' तल्या विद्यापीठ मटेरियल कॅरॅक्टरायझेशन प्रयोगशाळेतल्या रोबोटिक्स आनी आयओटी लॅब, मशीन लर्निंग लॅब, लिक्विड नायट्रोजन फॅसिलिटी, 2डी जीसी आनी टीओएफ मास स्पेक्ट्रोमीटर आनी स्क्विड मॅग्नेटोमीटर अशां ह्या सुविधांचे उक्तावण केले. तशेंच मुख्यमंत्र्यान 14 आनी 23 सीटांच्या इलेक्ट्रिक बसीचेय उक्तावण केले. सेसचेही उद्घाटन केले. ह्या साधनसुविधां खातीर सुमार 28.55 कोटी रुपयां खर्च केल्यात.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, भाषास्नॅप वेब ॲप्लिकेशनाक लागून गोंयच्या विद्यार्थ्यांक कोंकणीसयत तांच्या पसंदीच्या भाषांनी द्विभाषिक शिक्षणीक साहित्य उपलब्ध जातले. हे ॲप्लिकेशन भारतातल्या सगळ्यां 22 अनुसूचीत भाषांनी भाषांतराक सहकार्य करतले आनी ताका लागून मूळ भाषेची वळख कळपाक मजत जातली.

आंतरराष्ट्रीय विज्ञानीक सहकार्याची गरज आशिल्ल्याचें सांगून, मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी भारत-पोर्तुगाल ट्विनलॅब भागीदारीक लागून संशोधन, विज्ञानीक दिवप घेवप आनी क्षमता वाड माध्यमातल्यान नव्यान निर्माण जावपी पर्यावरणीय आव्हानांक फुडो करपाक मजत जातली. अस्तंत घाट, रानां, न्हंयों, खारजां, खारफुटी, पाणथळ वाठार आनी सागरी जैवविविधतायेचो उल्लेख करून तांणी हवामान बदल, अधिवासाचो ऱ्हास आनी प्रदूषणा सारख्या समस्यांक फुडो करपा खातीर विज्ञानीक पुरावे, प्रगत संशोधन पद्धती आनी निरंतर आंतरराष्ट्रीय सहकार्याच्या गरजेचेर भर

दिलो. गोंय विद्यापीठ आनी बायोपोलिस-सिबिओ (BIOPOLIS-CIBIO) हांच्या भागीदारीक लागून जैवविविधतायेचे दस्ताऐवजीकरण, संवर्धन, पर्यावरण निरीक्षण आनी पर्यावरणीय शाश्वततेक उर्बा मेळटली, तशेंच तरणाट्या संशोधकांक नव्यो संधी निर्माण जातल्यो आनी गोंय आनी पोर्तुगाल हांचे मदले संबंद आनीक मजबूत जातले. अशें तांणी सांगलें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/725

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.